Panaji regional 22 august 2025 at 7.20 pm

मुखेल खबरो

1. सरकार टॅक्सी वेवसायाविंशी खासा धोरण चालीक लायतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज दिल्या
2. सरकारान गोंयचो टॅक्सी वेवसाय  सामाळुन दवरपाच्या नदरेतल्यान धोरण चालीक लायले जाल्यारुच आम्ही सरकाराक तेको दितले अशे मत टॅक्सी वेवसिकांच्या  जाळ/वण/दारांनी व्यकत केला
3. मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत फाल्या सकाळी 10:30 वराचेंर ऑनलायन संभाशणाच्या माध्यमातल्यान म्हजे घर ह्या येवजणे विंशी गोंयकाराकडे संपर्क साधतले
4. हॅशटॅग बीजेपीचो बुराख ' हया  आम आदमी पक्षान चालीक लायिल्लया mohimek लागून बाबत रस्त्यची खरी म्हायती उक्ताडार आयल्या अशे  आम आदमी पक्षाचे  प्रदेशाध्यक्ष अमित पालेकार हांणी म्हणला

Cm taxi Rashmi /ganesh 120

सरकार टॅक्सी वेवसायाविंशी खासा धोरण चालीक लायतले.जाल्यार १० संप्टेंबर मेरेन ह्या धोरणाचो मसुदो गोंयच्या टॅक्सी वेवसायिका/मुंखार सरकार दवरतले. पारदर्शक तशेंच सुरक्षित तशेंच परवडवी अशा योग्य टॅक्सी भाडेसयत येरादारीचि सोय म्हण टॅक्सी वेवसाय सुरु करपाच्या हेतान सरकार हे धोरण चालीक लायतलो अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज टॅक्सी वेवसायिकांकडे बसका घेतल्या उपरांत दिल्या.

गोंयांत टॅक्सी एप नाका अशी मागणी टॅक्सी वेवसायिकांनी फाटल्य साबार दिसांसासंवन लावन धरल्या. सरकारान काय दिसा पयली काडील्लया कॅब एग्रीगेटर appच्या मसुद्याक लेगीत  टॅक्सी वेवसायिकांनी विरोध केल्लो.  तांच्या  ह्या मागणेच्या फांटभुयेर आयज  टॅक्सी वेवसायिकांनी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी पर्वरे मंत्रालयात बसका घेतली. सरकारान गोंयचो टॅक्सी वेवसाय  सामाळुन दवरपाच्या

नदरेतल्यान धोरण चालीक लायले जाल्यारुच आम्ही सरकाराक तेको दितले अशे मत टॅक्सी वेवसिकांच्या जाळ/वण/दारांनी मुखेलमंत्र्यावांगडा बसका घेतल्या उपरांत व्यकत केला

Cm mhaje ghar rashmi 85

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत फाल्या सकाळी 10:30 वराचेंर ऑनलायन संभाशणाच्या माध्यमातल्यान म्हजे घर ह्या येवजणे विंशी गोंयकाराकडे संपर्क साधतले अशी म्हायती महसुल खात्याचे जोड सचिव सुरेंद्र नायक हांणी दिल्या. ह्या वेळार म्हजे घर विंशी कशा पद्धतीन सरकारी, कम्युनिदाद, खासगी जागेत आशिल्ली घरा कायदेशीर जातली ते आनी , तशेंच म्हजे घर येवजणे वीशी चड म्हायती ते दितले. म्हजे घर येवजणेवरवी घरा नावार करपाक कितल्या दिसांचो प्राज दितले,घरा कायदेशीर करपाची प्रक्रिया कशी आसतली हे विंशी ह्यावेळार ह्या कार्यावळीतल्यान सर्व/सामान्यातल्यान म्हायती दितले. ह्या संभाशणाक चडान चड लोकांनी ऑनलायन माध्यमातल्यान हाजेरी लावची अशे आवाहन सुरेंद्र नायक हांणी केला.

Aap Rashmi 95

हॅशटॅग बीजेपीचो बुराख ' हया आम आदमी पक्षान चालीक लायिल्लया mohimek गोंयभरातल्यान बरो प्रतिसाद मेळळा, जाल्यार बाबत रस्त्यची खरी म्हायती उत्काडार आयल्या अशी म्हायती आपाचे प्रदेशाध्यक्ष अमित पालेकार हांणी दिल्या. गोंयभरात रस्त्याची चाळण जाल्या कारणान बाबत स्थिती जाल्या. हे विंशी आम आदमी पक्षान वेगवेगळया वाठारातल्या रस्त्यांच्या सध्याच्या स्थितीचेर उजवाड घाल्लो. अशे केल्या उपरांत सराकराक आता जाग आयल्या, आनी सरकार आता रस्त सारखे करपाचे उलोवपाक लागला , आनी आम आदमी पक्षान आवाज काडल्या उपरांत आता पावसापयली रस्त्याच्या दुरुस्तीचे जे काम जांवक जाय आशिल्ले, ते आता सुरु जाला

असो दावो पालेकार हांणी  पणजे आप  कार्यलायत घेतिल्लया पत्रकार परीशदेवेळार केला.    कमिशनाच्या नादान गोयभरात सध्या उण्या दर्जाचे  रसत्याचे काम जाला. जाल्यार  गोंय राज्यात सध्या    खट्टा मीठा ह्या पीक्चरातल्या  सचिन टीचकुले  ह्या कंत्राट/दार सारखे टीचकुले सारके  कंत्राट/दार जाल्यात, जाल्यार गोयात बर्या दर्जाचे रस्त्याचे काम ह्या विंशयाक गंर्भीतायेन  घेवच्यापरस ह्या  कंत्राट/दारांनी  ताची चिकाणा करुन उडयल्यात असो आरोप ह्यावेळार पालेकार हांणी केला. तशेंच बेगीनुच राज्यभरातल्या रस्त्यांचे  नुतनीकरण करपाक सरकारान कितले पयशे खर्च केले हाचो तपशील अहवाल आप पक्ष सरकारकडे मागतले अशे तांणी म्हणला.

Gaming act ७०

सरकारान 'ऑनलायन गेमींग प्रमोशन आनी रेग्युलेशन विधेयक 2025' संमत केल्या उपरांत भारतांतल्या ड्रीम स्पोट्र्स, गेम्सक्राफ्ट, मोबायल प्रिमियर लीग आनी ज़ुपी ह्या मुखेल मनी गेमींग कंपनींनी आपल्या प्लॅटफॉर्माचेर रियल मनी गेम्स बंद करपाक सुरवात केल्या. कुशळटायेचेर आदारीत आसूं वा संद आदारीत आसूं, जंय खेळगडे अर्थीक परताव्याची अपेक्षा दवरून पयशे गुंतयतात अश्या सगळया ऑनलायन पयशांच्या खेळांचेर ह्या विधेयकांत बंदी घाल्या. तशेच  खंयच्याय जाग्याची तपासणी करपाचो आनी उल्लंघनाच्या दुबावान वॉरंट नासतना खंयच्याय व्यक्तीक अटक करपाचो अधिकार हे विधेयक अधिकार्यांक दिता.

आदिवासी dip 75

गोंय आदिवासी संशोधन संस्थेन गोंयच्या स्वातंत्र्य चळवळीत भाग घेतिल्ल्या आनी जांच्या नावाची आजून मेरेन वळख वा नोंद जावंक ना, अशां अनुसूचित जमातीच्या व्यक्तींची नावां मागयल्यात. संस्थेन  15 ऑक्टोबर 2025 मेरेन गोंय राज्य अनुसूचित जमाती वित्त आनी विकास महामंडळाचे कार्यालय, दुसरो माळो,  दयानंद स्मृती इमारत, स्वामी विवेकानंद रोड, पणजी गोंय हांगा  पडताळणी खातीर तपशील

धाडपाचे आवाहन केला.  आदिवासी संशोधन संस्थेन आदिवासींचो वारसो सांबाळपा खातीर आनी फुडल्या पिळग्यांग आदिवासी स्वातंत्र्य सैनिकांच्या बलिदानाची म्हायती कळची म्हूण हो मोलादिक वावर हातांत घेतला.

red ribbon subhash 150

गोंय राज्य एड्स नियंत्रण संघटनेन जिल्लो पांवड्यार आनी राज्य पांवड्यार इकरावेच्या विद्यार्थ्यां खातीर रेड रिबन क्विझ सर्त घडोवन हाडल्या. ही सर्त 8 सप्टेंबराक सकाळीं 9 वरांचेर पणजेच्या मिनेझीस ब्रागांझा सभाघरांत जातली. तरणाटें पिरायेच्या भुरग्यांक एच.आय.वी आनी एड्स सारक्या जिवाक धोको आशिल्ल्या दुयेंसां विशीं आनी ताचे खातीर जाय आशिल्ली जिणे पद्दती विशीं शिक्षण दिवपाच्या हेतान गोंय राज्य एड्स नियंत्रण संघटनेन ही सर्त घडोवन हाडल्या. उच्च माध्यमीक शाळांच्या सगल्या प्राचार्यांनी ही म्हायती विद्यार्थ्यां मेरेन पावोवपाचें आवाहन गोवा राज्य एड्स नियंत्रण संस्थेन केलां, गोंय राज्य एड्स नियंत्रण संघटनेचे प्रकल्प संचालक डॉ.वंदना धुमे हांणी जिल्हो पांवड्यावेले प्रस्नमाची सर्ती खातीर 25 प्रस्न 20 मिनटांनी सोडोवचे पडटले अशी म्हायती दिली. जिल्हो पांवड्यावेले दोन उत्कृश्ट पंगड वेंचून काडटले आनी ते राज्य सर्ती खातीर पात्र थारतले अशें तांणी सांगलें. निमाणे सर्ती खातीर पयलें इनाम १०,०००, दुसरें इनाम रु. ८,०००, तिसरें इनाम रु. ६,००० आनी चवथें इनाम रु. 4 हजार रुपया इतले आसा अशें गोंय राज्य एड्स नियंत्रण संघटनेच्या संचालकान सांगलें.

इस्रो ४०

स्वातंत्र्याची शंबर वर्सां पुराय जावचे पयलीं भारताक विकसीत देश करपाखातीरच्या विकसित भारत 2047 मोहिमेत इसरो योगदान दितले  अशें भारतीय अंतरिक्ष संशोधन संघटना म्हळयार इसरोचे अध्यक्ष व्ही. नारायणन हांणी सांगलें.  नवी दिल्लींत जाल्ल्या राष्ट्रीय परिशद 2025 च्या उक्तावण अधिवेशनांत उलयतना तांणी हे सांगलें

ganeshotsav dip 75

सहकार खातें 23 ते 25 ऑगस्ट मेरेन फोंडेच्या पोरन्या बस स्टँडावेल्या श्री झरेश्वर भौशिक गणेशोत्सव मंडळ सुवातेर 'चतुर्थी बाजार' घडोवन हाडटा. हो चतुर्थी बाजार बचत गटांक आपलीं उत्पादनां एकाच पाख्या खाला प्रदर्शित करपाची आनी उपक्रमांक प्रोत्साहन दिवन एकामेकांकडे वळख करपाची आनी

एकामेकां कडेन संवाद सादून आपल्या वेवसायीक उपक्रमांचो प्रचार करपाची संद दितली. 23 ऑगस्ट क सकाळीं 9.00 वरांचेर स्थळार नोंदणी सुरू जातली.

IMD 60

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 30 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान tapman २5 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. हवेतली आर्द्रता ८३ टक्के आसा फुडले काय दिस हल्को व मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता. वारे वराक 40 ते 50 किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 60 किलोमीटर इतलो वाडू येता देखून नुसते मारानी हे काळात खोल दऱ्यांत वचचे न्ही अशे वेधशाळेन कळीत केला.

Sports 1 90

खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान आयोजीत केल्ल्या आंतर उच्च माध्यमिक आंतर-झोन चार बॅडमिंटन सर्तींत 19 वर्सां सकयल्या विभागा खातीर, सीटीएन उच्च माध्यमीक शाळा, कुडचडे हांणी चले-चलयांचे खिताब जिखले . ही सर्त बोरीमळ खेळां संकुलांत जाल्ली. चल्याच्या विभागांत निमाणे मॅचींत सीटीएन उच्च माध्यमीक शाळेन गुडी-परोडा हांगाच्या दामोदर उच्च माध्यमीक शाळेचो पराभव केलो. चलियांच्या विभागांत निमाणे मॅचींत सीटीएन उच्च माध्यमीक शाळेन कुंकली युनायटेड उच्च माध्यमीक शाळेक हारयले .

आता खबरो सोपोवच्या पायली परत एक फावट काय मुखेल खबरो

1. सरकार टॅक्सी वेवसायाविंशी खासा धोरण चालीक लायतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज दिल्या

2. सरकारान गोंयचो टॅक्सी वेवसाय सामाळुन दवरपाच्या नदरेतल्यान धोरण चालीक लायले जाल्यारुच आम्ही सरकाराक तेको दितले अशे मत टॅक्सी वेवसिकांच्या जाळ/वण/दारांनी व्यकत केला

3. मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत फाल्या सकाळी 10:30 वराचेंर ऑनलायन संभाशणाच्या माध्यमातल्यान म्हजे घर ह्या येवजणे विंशी गोंयकाराकडे संपर्क साधतले

4. हॅशटॅग बीजेपीचो बुराख ' हया आम आदमी पक्षान चालीक लायिल्लया mohimek लागून बाबत रस्त्यची खरी म्हायती उक्ताडार आयल्या अशे आम आदमी पक्षाचे प्रदेशाध्यक्ष अमित पालेकार हांणी म्हणला

5. भारताक विकसीत देश करपाखातीरच्या मोहिमेत इसरो योगदान दितले अशें इसरोचे अध्यक्ष व्ही. नारायणन हांणी सांगला.

आणि इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपलयो.. आकासवणी पणजी केंद्राचे मुखावेले प्रादेशिक खबरांपत्र तुमका अयकूक मेलटले फालया सकाळी सात वरा पंचविस मीटांचेर नमस्कार